Time : 2½ Hours **KONKANI (Language-II)**

**Subject Code**

| H | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 8 (Printed Pages : 7) Maximum Marks : 80**

**सुचोवण्यो** : (*i*) दरेक प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्न आनी उपप्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन विधानांचें संदर्भासयत स्पष्टीकरण करात : 10

(क) 'कोण आयलो ना जाल्यार हांव तुमकां एकले वचूंक दिवपाचो ना.'

(ख) 'आपूण आपणांक देव समेस्तांक, हो आयच्या काळाचो न्याय जाला रे बाबा'.

(ग) पिसोळें सोडूव वचप ? म्हज्या हातांतलें काम अर्देंच उल्लें.

(घ) जर तांणीं आपापलें काम करूंक नासलें तर ?

2. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8 ते 10 उतरांनी बरयात : 2

(अ) पर्यावरणाचे साबार प्रस्न केन्ना सुटावे जातले ?

(आ) ब्रिटीश पावचेआदी कारवार वाठाराक कितें म्हणटाले ?

(इ) 'वेळेवयलीं रेंवे-धरां' हया पाठांतल्या दोतोराक खंयच्यो दोन गजाली मनासारक्यो मेळ्ळयार पूरो अशें दिसताले ?

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40 ते 45 उतरांनी बरयात : 6

(अ) 'शिश्टाय' पाठाच्या आदारान दुर्योधनाचें सभाव चित्रण करात ?

(आ) भुरगीं आनी डॉ. अब्दुल कलाम होंचें नातें कशें आसा ?

(इ) खिणाभितर थार न्हिदून गेल्ल्या रमेशाचें वर्णन करात.

(ई) दिपकावणेक भोंवताना नुस्तें सांबाळप्याक कसले त्रास जातात ?

3. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन पद्यांशांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात : 8

(अ) माजार बसलां हुमरो राखीत

गोठ्यां म्हसरां हांबे हांबे

भुरकटून नाचता लापीट

(आ) जनगणमन अधिनायक

मेकळ्या गोंयचें गीत आयक

दो रे मी फा ..................

सा रे नी सा ..................

आमचें गोंय गायता.

(इ) तरीय काळजांत कुसरां उरलीं

त्या झाडांच्या मुळांनी

केन्ना म्हजी कुंडी फोडिल्ली ........

(ई) दिकाळ हरवी शिरी कुंवारी

निकर्ती आमुल्लेक चंवरां

अरळ आकुळ नुरो कांपऱ्यो

लजाळ गुपितां नदरां नदरां

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 30 ते 35 उतरांनी बरयात : 6

(अ) 'हाड चेडवा बुडकुलो' कवितेंत आपले मोगिकेलागीं लग्न जावपाक सोदपी मोगी तरणाट्याचे बंडखोर विचार कवीन कशें तरेन उक्तायला ?

(आ) संवसारांतल्या कश्ट-त्रासांनी बावन गेल्ल्या मनाक 'होळी' कशे तरेन उमेद हाडटा ?

(इ) 'एक हावेस' कवितेंत कवीन कसलो हावेस उक्तायला ?

(ई) 'सगळें आता इतिहासजमा' हे कवितेंतल्यान शारीकरणान निर्माण केल्ल्या सांस्कृतीक आनी भावनीक बदलाचें चित्रण कशें केला ?

4. (क) सकयल दिल्लीं खंयचींय **चार** वाक्यां कंवसात सुचयिल्ले प्रमाण बदलून बरयात : 4

(अ) सांते बाजाराचे भोंवतणीं मार्गारय बाजार भरता.

(भविश्य काळांत बरयात)

(आ) तुमी सैमाचे वांगडी जायशात ? (आज्ञार्थी करात)

(इ) दोतोराक पटोवप सोपें न्ही. (अर्थ बदलिनासतना हयकारी करात)

(ई) जीणेंत जें मेळटा ताचो स्वीकार कर. (प्रस्नार्थी करात)

(उ) जाण्टयांच्या दीर्घ (अणभव) लाब घरच्यांक सहजपणाना मेळूं येता.

(कंसात दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात)

(ख) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसात दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्राराचो वापार करून विधाना परतून बरयात : 2

(अ) अनील सोरपाक पळोवन भियलो.

(आ) आग्नेलान मेळयिल्ल्या जैतान आवय-बापायच्या जिणेंची अपेक्षा पुरी जाली.

(तटास जावप, आंग काडप, बिरमत फुटप, सार्थकजावप)

(ग) सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रूप रित्या सुवातीनीं घालून विधान पुराय करून बरयात : 2

कार्यावळीचे सुत्रसंचालन विद्यार्थी शाम गांवकार हांणी .................. . उपरांत सगळ्यांची उमेद वाडोवपी सांस्कृतीक कार्यावळ ...................... .

(करप, दिवप, जावप, येवप)

5. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उतरांची उरफाटया अर्थाचीं उतरां बरयात : 3

(अ) दाट

(आ) नवें

(इ) संभव

(ई) देशी

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उतरांची विशेशणां करात : 3

(अ) कश्ट

(आ) पर्जळ

(इ) हुशारकाय

(ई) पातक

(ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** उतरांची भावनामां करात : 3

(अ) कुशल

(आ) गोड

(इ) गिरेस्त

(ई) पिशें

(घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** ओपारींचे अर्थ बरयात : 3

(अ) बोट दिल्यार हात गिळटा.

(आ) गरज जाली, वैज मेलो.

(इ) आयत्या बिलांत नागोबा.

(ई) मोडक्या खुरसाक कोण पाया पडटा ?

(उ) वारो येता तशें सूप धरता.

6. (क) 'धुंवळी वखदां' (Narcotics Drugs) आनी आयचो तरणाटो' हया विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट/इश्टिणी वांगडा केल्लो संवाद 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

(ख) 'ज्ञानविकास उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या' 'फुगडी सर्त' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका।आपोवणें तयार करात. 5

7. (क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात :

मनशान आपणालो दिसवडो कश्टांनी, हूम काडून मेळोवंक जाय. मेंदूक श्रम दिवन, कुडीन मन लावन काम करचें आनी आपले जोडीन अन्न मेळोवचें. मन, प्राण आनी शक्त हाचो उपेग करुन मेळयिल्लें अन्न रूचीक आनी गोड लागतले. आपल्यांतलो दोश दिसतकर तो उडोवन, आपल्यांत सुदारणा जावची म्हण आयुश्यभर खटपटींत आसचे. जें कितें करपाचें आसा तें आत्मविस्वासान करूंक जाय. एक वेळ अडचणी येतीत तें कोणाच्यान सांगूं नज. त्या वेळार वाट दाखोपपी दुसरो कोण मेळना आल्यार आपल्या 'भितरलो आवाज' आनी भितरली नदर' दाखयता ते वाटेन चलचें. बरें काम करताना आपणालो आनी कोण सांगाती आसा काय म्हण पळयत राव नाकांत. हांव एकलो सुद्दा आसलो तरी बरें काम करीत रावतलो. अशे समजून कामाक लागात. हया जगांत मनशान काकूट करप, करूणेन चलप, आनी सहानुभूती जोडप हें मनीसपणाचें लक्षण आसा.

**प्रस्न :**

(*i*) मनशान आपणालो दिसवडो कसो मेळोवंक जाय ? 1

(*ii*) अन्न रूचीक आनी गोड केन्नां लागतलें ? 1

(*iii*) अडचणी वेळार वाट दाखोवपी कोण मेळना जाल्यार कितें करचें ? 1

(*iv*) मनीसपणाचें लक्षण कितें आसा ? 1

(*v*) उताऱ्याक फावो सारको माथालो दियात ? 1

(ख) तुमी/रिया/राकेश नायक, हाऊसींग बोर्ड, रायबंदर-गोंय, सावन सकयल दिल्ली जायरात वाचून अर्ज करता अशें समजून अर्ज बरयात. 5

**गरज आसा**

उपसंपादक (SUB-EDITOR)

| | | |
|---|---|---|
| शिक्षणीक पात्रताय | : | बारावी पास |
| | : | पत्रकारितेचो कोर्स |
| | : | कोंकणी भाशेंचे गिन्यान |
| | : | संगणकाचें गिन्यान आसप गरजेचें |
| अणभव | : | उण्यात उणें एक वर्सा |

पुराय म्हायती सयत अर्ज करात.

संपर्क : संपादक

दै. भांगर भूय

मडगांव-गोंय

8. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात : 8

(अ) हांव पुस्तक उलयता.

(आ) रेल्वे स्टेशनार एक वर

(इ) प्लास्टीक कोयर व्हड समस्या आनी उपाय.

(ई) भुरग्यांची सुरक्षा-जबाबदार कोण ?